# राष्ट्रपती श्रीमती द्रौपदी मुर्मू हांच्या हस्तुकीं 'आयुष्मान भव' मोहिमेचो शुभारंभ

ता. 13 सप्टेंबर 2023

भारताच्यो राष्ट्रपती श्रीमती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज केंद्र सरकारान खास उपक्रमावरवीं पुराय देशभरांत निमण्या टप्प्यामेरेन भलायकी सेवा पावोवपाची खात्री दिवपाच्या उद्देशान सुरू केल्ल्या 'आयुष्मान भव' मोहिमेचो व्हर्च्युअल पद्दतीन शुभारंभ केलो. राष्ट्रपतीन 'आयुष्मान भव' पोर्टलाचेय अनावरण केले.

केंद्रीय भलायकी मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया, भलायकी आनी कुटुंब कल्याण राज्यमंत्री एस पी सिंह बघेल आनी डॉ. भारती पवार हांच्या उपस्थितीत मोहिमेचो शुभारंभ जालो

'आयुष्मान भव' ही मोहिम महात्मा गांधीजींच्या 'अंत्योदय' ह्या संकल्पनेकडन प्रेरित आसून प्रधानमंत्री श्री नरेंद्र मोदी हांच्या जल्म दिसा 17 सप्टेंबराक सुरू जातली आनी गांधी जयंती दिसा 2 ऑक्टोबराक समारोप जातलो. मोहिमेचो हो काळ सेवा पखवाडा म्हुण पाळटले आनी निमण्या गांवच्या निमण्या मनशामेरेन सेवा पावोवपाचो प्रयत्न आसतलो. श्रीमती द्रौपदी मुर्मू हांणी ह्या मोहिमेवरवीं खंयचोय मनीस वा गांव फाटी उरचो ना हाचेर भर दिवन सगळ्यांक भलायकी सेवांअंतर्गत आस्पावन घेवपाचे उद्दीश्ट पुर्ण करपात येतले अशें सांगलें.

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान विविध भलायकी सेवा आनी येवजणांविशीं जागरूकताय वाडोवपा खातीर आनी प्रत्येक गावांत आवश्यक भलायकी सेवा पावोवपाची खात्री करपा खातीर "आयुष्मान भव" मोहिम सुरू केल्या. ह्या मोहिमेत आयुष्यमान भारताचो विस्तार- आयुष्मान आपके द्वार 3.0 अंतर्गत प्रधानमंत्री जन आरोग्य योजना, आयुष्मान मेळा- भलायकी आनी कल्याण केंद्रां आनी सामुदायिक भलायकी केंद्रांचेर भलायकी मेळाव्यांचे आयोजन, आयुष्मान सभेचे आयोजन अशां उपक्रमांचो आस्पाव आसा.

गोंयांत भलायकी सेवा संचालनालयान पणजे मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत आयोजीत कार्यक्रमात 'आयुष्मान भव' मोहिमेचो राज्य पांवड्यार शुभारंभ जालो. भलायकी सचीव श्री अरुण कुमार मिश्रा, भलायकी सेवा संचालिका डॉ. गीता काकोडकर आनी हेर अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार लाभार्थ्यिंक ABHA कार्ड आनी PMJ खात्यांचे वाटप केले. श्रीमती पूजा नाईक आनी डॉ. योगेश पोतदार हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले, जाल्यार भलायकी सेवा संचालनालयाच्यो उपसंचालक डॉ. रुपा नाईक हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/721

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.